# लोकांक वेळेच्या मर्यादेत भौशीक सेवांचो लाव दिवन
# सुशासन प्रदान करपाक प्राधान्य

लोकांक सुशासन दिवपाखातीर तत्पर, कार्यक्षम आनी पारदर्शक सेवा दिवप अत्यंत म्हत्त्वाचें आसा. कोणूय सत्तेच्या कारभाराची सूत्रां हातात घेतल्या उपरांत सदाच सामान्य मनशाच्या भल्याखातीर काम करपाचो प्रयत्न करता हातूंत कसलोच दुबाव ना. आपल्या वावरातल्यान राज्य आनी थंयच्या जनतेच्या हिताखातीर विविध उपाय येवजणो सुरू करून अपेक्षित लाव मेळोवन दिता.

वेंचून आयिल्ल्या लोकप्रतिनिधींनी जांव मागीर ते थळाव्यों स्वराज्य संस्थांचे आसू, विधानसभेचे सदस्य आसू, संसद सदस्य आसू तांणी आपल्यो आकांक्षा आनी अपेक्षा पूर्ण करच्यो, अशी लोकांची अपेक्षा आसतात. पुण हे तेन्नाच पुर्ण जावपाक शकता जेनाना लोकसेवक आपले कर्तव्य आनी जापसालदारकी समजून जनतेची सेवा प्रभावीपणान आनी समर्पीत भावनेने करतलो.

ही गजाल लक्षांत मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणाखालच्या सरकारान सरकारी अधिकाऱ्यांची कार्यक्षमता वाडोवपाखातीर दिशानिदेशन कार्यशाळा, प्रशिक्षण आनी हेर कार्यक्रम नेमान आयोजीत करपाक सुरुवात केल्ली आसा. संबंदीत अधिकाऱ्यांची कार्यक्षमता, तत्परता आनी कर्तव्य जबाबदारीच्या भावनेतल्यान लोकांच्या समस्यांचे निराकरण करप हो अशा उपक्रमांचो हेत आसा. तशेंच “सरकार तुमच्या दारी” उपक्रमा वरवीं सरकारी येवजणो लोकांच्या दारामेरन पावोवन लोकांच्यो गरजो पूर्ण करप आनी लोकांक सरकारी खात्यांनी फावटी मारपा पासून थाकाय दिवपाखातीर सरकारान प्राधान्य आसा. अशा तरेन सरकारान लोकहिताचे अनेक उपक्रम येवजणो सुरू केल्यात. सरकार तुमच्या दारी उपक्रम यशस्वी करपा खातीर सरकारान गांवागांवांनी स्वयंपूर्ण मित्रांची नियुक्ती केल्ली आसा. स्वयंपूर्ण मित्रांवरवीं लोकांक सरकारी येवजणांची म्हायती करून दिवपा वांगडाच तांचो लाव घेवपाक सर्वसामान्य लोकांक मदत करपात येता. सरकारच्या स्वयंपूर्ण गोंय उपक्रमा वरवीं गोंयच्या लोकांक राज्य आनी केंद्र सरकारच्या येवजणांचो चडांत चड लाव मेळोवन दिवन लोकांक आत्मनिर्भर जावपाक प्रोत्साहन दिवप, हो ह्या उपक्रमाचो उद्देश आसा.

ग्रामीण वाठारांतल्या लोकांक सक्षम करपाखातीर गोंय सरकारान डिजिटल येवजणय सुरू केल्ली आसा. हे येवजणे वरवीं निवडक सरकारी सेवा लोकांच्या दारामेरेन पावोवपाचो विचार आसा. ह्या उपक्रमाक लागून ग्रामीण मित्र आपलो वेळ आनी संसाधनाचो वापर वाचोवपाक शकता. तशेंच डिजिटल युगात कोणीय पाटी उरचो ना हाडी खात्रीय करता.

सरकारी अधिकाऱ्यांक सेवोत्तम आनी गोंय (वेळेच्या मर्यादेत सेवा अधिकार) कायदो 2013 विशीं मार्गदर्शन करपाखातीर गोंय लोक प्रशासन आनी संशोधन विकास संस्थेन (GIPARD) प्रशासकीय सुधारणा आनी भौशीक कागाळ खात्याच्या सहकार्यान हालीच एला फार्म, ओल्ड गोवा हांगा एका दिसाच्या प्रशिक्षण कार्यक्रमाचे आयोजन केल्ले. ह्या मार्गदर्शन कार्यक्रमात मुखेल अशा सरकारी खात्यांचे 24 अधिकारी सहभागी जाल्ले. ॲड. सावियो ट्रावासो, गोंय नागरी सेवेतले निवृत्त अधिकारी श्री. अशोक देसाय, आदले जिल्हाधिकारी श्री. एन. डी अग्रवाल हांणी प्रशिक्षण कार्यक्रमा अधिकाऱ्यांक मार्गदर्शन केले. म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन हांव ह्या प्रशिक्षण कार्यक्रमात सहभागी जाल्लो.

कार्यशाळेत सेवोत्तम संकल्पनेतल्यान गुणवत्ता वेवस्थापन, भौशीक कागाळींचे निराकरण, लोकांक सरकारी येवजणांची म्हायती दिवपा खातीर सरकारी खात्यांनी सिटीजन चार्टर तयार करप आनी हेर संबंदीत विशयांचेर मार्गदर्शन केले.

भौशीक कागाळींचे वेळार निवारण करपाखातीर प्रत्येक सरकारी विभागात भौशीक कागाळ अधिकाऱ्याची नेमणूक करप, सरकारी खात्यांनी सिटीजन चार्टर तयार करून प्रशासनात कार्यक्षमता आनी उत्कृश्टता निर्माण करप हे विशींय मार्गदर्शन जाले.

सरकारी अधिकाऱ्यांक आपले कर्तव्य प्रभावीपणान पार पाडपाखातीर तांची कार्यक्षमता सुदारप, तांच्या ज्ञानात भर घालप आनी तांची कुशळटाय वाडोवपाक अशा कार्यशाळांचे आयोजन करप ही काळाची गरज आसा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/716

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.